# <u>फाल्या 4 ऑक्टोबराक 20 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे उक्तावण</u>

ता. 3 ऑक्टोबर 2023

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यान ता. 4, 5 आनी 6 ऑक्टोबर 2023 दिसा रविंद्र भवन, मडगांव हांगा 20 व्या युवा महोत्सवाचे आयोजन केला. फाल्या 4 ऑक्टोबराक सकाळीं 10.30 वरांचेर महोत्सवाचें उक्तावण जातलें आनी 6 ऑक्टोबराक सांजेच्या 4.00 वरांचेर महोत्सवाचो समारोप जातलो.

कार्यक्रमाक खेळा आनी युवा वेव्हार मंत्री श्री. गोविंद गावडे हे मुखेल सोयरे आसतले. आमदार दिगंबर कामत, विजय सरदेसाय, खेळा आनी युवा वेव्हार खात्याच्यो सचीव स्वेतिका साचन आनी हेर मानेस्तय कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

महोत्सवात लोकनाच (पंगड), लोकनाच (सोलो), फोटोग्राफी, कथा लेखन, पोस्टर, वक्तृत्व सर्त लोकगीत, लोकगीत (सोलो), फोटोग्राफी प्रदर्शन, पोस्टर प्रदर्शन, हस्तकला, लुगट आनी कृशी उत्पादन सादरीकरण, विशय आदारीत सामाजीक उद्‌देजकताय स्टॉल्स (पंगड/वैयक्तिक), सरकारी स्टॉल्स अशां गटांनी सर्ती जातल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/766

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.